भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# एजेकील: दर्शनांचो मनीस



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Lazarus
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Ruth Klassen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

बऱ्याच आदीं बळिश्ट सैन्यान जुदाचेर हल्लो करून देवाच्या जायत्या लोकांक बंदखणींत परतून बाबिलोनाक व्हेले.

घरांतल्यान पयस हे ज्यू लोक चेबर न्हंयचे कुशीक रावताले. तातूंत देवाचो सेवक इजेकील संदेष्टो आसलो.



एक दीस देवान इजेकीलाक एक दर्शन दिलें. देवाची महिमा एक तेजस्वी उजवाड म्हूण, चार अग्नीमय जिवांच्या रुपांत दिसली. दर एकाक चार तोंड आनी चार पाखां आशिल्लीं. तांचे वयर एक सोबीत नीलमाची सिंहासन आशिल्ली, ती ज्वालामुखी इंद्रधनुष्या भशेन उजवाडान भरिल्ली. एजेकील तें पळेवन तोंडार पडलो.



देव इजेकीला कडेन उलयलो. “हांव तुका इज्रायल लोकां कडेन धाडटां. तांकां म्हजीं उतरां सांगात, कारण ते बंडखोर आसात.” एक ग्रंथ धरून एक हात दिसलो. “हो ग्रंथ खा” देवान म्हणलें, “आनी वचून इज्रायलाच्या घराण्या लागी उलय.” कसली विचित्र आदन्या! पूण एजेकीलान आदन्या पाळून तो ग्रंथ खालो.



देवाच्या आत्म्यान इजेकीलाक उखलून व्हेलो आनी ताका केबर न्हंयचे देगेर दुसरे सुवातेर रावपी बंदिस्त ज्यू लोकां कडेन व्हेलो. सात दीस तो, ते बसले थंय बसलो, ताणें पळयल्लें पळोवन विस्मित जालो. मागीर देवान इजेकीलाक राखोंदार केलो. ताणें दुश्ट लोकांक देवाची आदन्या मोडची न्हय अशी शिटकावणी दिवपाची आशिल्ली.





इजेकीलान देवाचें उतर लोकांक स्पश्ट करुंक जायतीं विचित्र कामां केलीं. ताणें मातयेची फळीचेर जेरुसलेमाचें चित्र खरोवन काडलें. घडये ताणें जेरुसलेम भोंवतणीं एका बळिश्ट सैन्याचीं आकृती काडटना लोक ताच्या खांद्या वयल्यान पळयताले. देवाचें पवित्र शार रोखडेंच नश्ट जातलें हें तो दाखोवन दितालो.

उत्तरेकडलें राज्य इझ्राएलान ३९० वर्सां देवाची आदन्या मोडलें आनी दक्षिणेकडलें जुदा राज्यान ४० वर्सां आदन्या आदन्या मोडली. देखूनच इज्रायलाचो नाश जाल्लो आनी जुदा रोखडोच पडटलो. देवान इजेकीलाक सांगलें की ३९० दीस आपल्या दाव्या बाजूक न्हिदेचें, मागीर ४० दीस उजव्या बाजूक, लोकांक तांच्या पातकाच्च्या वर्सांचो उगडास करून दिवपाक सांगलें.





घडये लोकांक एजेकील हो एक बरोच विचित्र मनीस अशें दिसूंक लागलें आसतलें. देवान सांगिल्लें सगळें ताणें केलें. एक दीस ताणें आपले केंस मुंडायले आनी ताचो एक तिसरो भाग जळयलो. बाबिलोनाच्या सैन्यान शाराचेर हल्लो करतना जेरुसलेमांतल्या लोकांचो एक तिसरो भाग रोग आनी दुकळाक लागून मरतलो हें दाखोवपा खातीर आशिल्लें.



एजेकीलान ताचे केंसाचो आनीक एक तिसरो भाग घेवन तलवारीन कापले. दुस्मानाच्या तलवारींतल्यान एक तिसरो भाग लोकांक मरण येतलें हें दाखोवपा खातीर अशें केल्लें. निमाणे तिसरो केंसाचो भाग, एजेकीलान वाऱ्याक शिंपडलो. पूण देव आपल्या कांय लोकांक सुरक्षीत दवरतलो आनी तांकां वचन दिल्ल्या देशांत परतून दितलो हाची एक संकेत म्हणून



ताणें आपल्या वस्त्राच्या शेवटाक थोडे केंस शिंवले.

ह्या धाडसी संदेष्ट्यान बंदखणींतल्या ज्यू लोकांक सांगलें, गजाली वायट जातल्यो, तांणी आशेल्ले प्रमाण बरे जावंचे नात. लोकांक इजेकीलाचेर राग आयलो, पूण तो देवाचें उतर उलयत रावलो. एक दीस तो इज्रायलाच्या जाण्ट्यां वांगडा बसताना देवान इजेकीलाक एक दर्शन दिले. त्या दर्शनांत देवान ताका केंसांक धरून जेरुसलेमांतल्या देवळांत व्हेलो.



देवळांत देवान एजेकीलाक सरपटपी वस्तू, अशुध्द जनावरां आनी मूर्ती दाखयली. हीं केन्नाच देवाच्या देवळांत आसूंक फावनाशिल्लीं.



फुडारी देवाच्या जाग्यार हानची पुजा करताले. तशेंच देवान इजेकीलाक दाखयलें की ताची महिमा देवळा भायर सरता आनी ते देवळ नश्ट जातले. दर्शन सोंपतकच एजेकीलान ज्यू लोकांक हे विशीं सांगलें.





देवान सांगिल्लें सगळें साकार जालें. जेरुसलेम नश्ट जालें. जायत्या जाणांचो नाश जालो. बाबिलोनांत बंदखणींत आशिल्ल्या ज्यू लोकांनी तें आयकलें तेन्ना देवान आपले लोकांक सदांखातीर सोडून दिल्यात काय कितें असो तांकां प्रस्न पडलो.

पूण देवान आपल्या संदेष्ट्याक आनीक एक संदेश दिलो. ताणें एजेकीलाक सुक्या हाडांनी भरिल्ल्या देगणांत व्हेलो – मनशाच्या हाडांनी.



“मनशाचो पुता, हीं हाडां जियेवंक शकतलीं?” देवान इजेकीलाक विचारलें. “हे देवा, तुका खबर आसा” एजेकीलान जाप दिली. अर्थांत सुकीं हाडां परत जियेवंक शकनात.



सर्वेस्परान म्हणलें, “ह्या हाडांक भाकीत कर आनी म्हण ‘हे सुक्या हाडां, सर्वेस्पराचें उतर आयक! तुमी जियेतलें.’” ताणें आदन्या पाळ्ळें तेन्ना एजेकीलाक एक खरखरीत आवाज आयकलो. कित्याक लागून जालें अशें तुमकां दिसता?



संदेष्टा आश्चर्यान पळयत आसतना, हाडां एकठांय येवन कुडीं तयार जालीं.



मागीर, मांस तांचेर आयलें.



आनी कातीन तांकां व्यापून दवरलें,
पूण तातूंत स्वास नाशिल्लो.



सर्वेस्परान म्हणलें, “मनशाच्या पुता, भाकीत कर आनी म्हण, चार वाऱ्यां पासून ये स्वास. हानचेर स्वास घे, तांकां जियेवंक मेळचें.’” जेन्नां एजेकीलान तशें केलें तेन्नां तांकां स्वास आयलो. ते जियेले आनी पांयांचेर उबे रावले. एक व्हड सैनान आतां ती सुवात भरली.



जेरुसलेम पडलें तेन्ना बॅबिलोनांतल्या ज्यू लोकांक निराशा जातली हें देवाक खबर आशिल्लें. ताणें एजेकीलाच्या दर्शनां वरवीं एक संदेश धाडलो. “ही हाडां इज्रायलाचें सगळें घर” अशें देवान सांगलें. “हांव म्हजो आत्मो तुज्यांत घालतलों आनी तुमकां देशांत परत हाडटलो.”



देवा कडल्यान कितलो व्हडलो आशेचो संदेश! उपरांत ज्यू लोक आपल्याच देशांत परतले तेन्ना एजेकीला वरवीं देवान दिल्लें उतर साकार जालें. सर्वेस्पर देवान तांकां घरा हाडल्यात हें तांकां कळ्ळें. देवाचें उतर सदांच खरें जाता.



# एजेकील: दर्शनांचो मनीस

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

इजेकील

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात!   जुांव 3:16